मुळां

प्रसाद लोलयेंकार

मुळां

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

मुळां

प्रसाद लोलयेंकार

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

मुळां (कवितां-झेलो)

- प्रसाद लोलयेंकार

MULAM (Collection of Poems)

- PRASAD LOLAYENKAR

प्रकाशन क्र. २

© प्रसाद लोलयेंकार

आगस - लोलयें, गोंय.

पयली उजवाडावणीः
१८ जून १९९५

प्रकाशक :
श्री. मिलींद कमलाकर म्हाळशी
ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,
श्रीस्थळ - काणकोण, गोंय ४०३ ७०२

मुद्रक :
श्री. श्रीकांत आमोणकार,
सम्राट प्रिंटर्स, बाणस्तारी - गोंय

मुखचित्र, भितरलीं चित्रां :
श्री. विल्सन डिसौजा

प्रतीः १००० (एक हजार)

मोल : ३० रुपया

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'पयलो चंवर' अनुदान येवजणेखाला छापलां.

तो रूख पडल्यार
कितलोसोच तेंप जाला...

त्या रुखामुळांचो फोंडारो तरीय
त्या मुळांच्यो दवरीत यादी
अजूनूय तसोच रावला...

अण्णाक...

● मुळां गगनाक मेळूं

मनशाच्या जिवितांतलो दर खीण सवन विश्वाक सर्वंगान गुंथलेलो आसता. ह्या खिणाची जाण जेन्ना जेन्ना मनशाक जाता तेन्ना तेन्ना तो अळार भुरकुट्टा. ह्या खिणांच्या जाणिवांनी तो उचंबळटा. आनी मागीर त्याच खिणांनी घुस्पून उरता. कितलोसोच वेळ, कितलेशेच दीस, वर्सां असो. आनी हेच खातीर प्रसाद बाबाक एक कविता एका विशयाखातीर पावना. तो एकाच विशयाक घेवन परत परत कविता बरयता. तो त्या विशयांतले वेगवेगळे आशय सोदीत रावता, थंयच. आमी कशे भुरगे आसतना अजापांच्या गजालिंनी घुस्पून उरतात आनी मागीर आमकां वेळाचें भान उरना. हरशीं वेळाचें भान त्याच लोकांक आसता जांका वेळाक पारे घालूंक जमता. पारे घालपांत कितकोय वेळ गेल्यार जाता तांकां. पूण प्रसादाचे कवितेंत हे पारे जावं हे आडे सैम नेमाप्रमाण फुटून वयतात, तें पळोवंक गावता.

शेकान शेक वाडिल्लो
तो पिंपळाचो रूख...
लोकांनी ताचे भोवतणी
पेड बांदून काडलें
आनी नमळायेळ हात जोडले
लोकांचे हें पिशेपण मानवलेंना
म्हणून घडये
स्वताक दिल्लें देवपण मानवलेंना
म्हणून घडये
मुळांनी पेड फोडून उडयलें

हें पेड मोडून उडोवपाचें काम मुळांच करतात. तशीं मुळां जमीन घट करतात, पूण कृत्रीम बांध तांकां पचना. तांणी फुटून वचप मुळांतसून हेंच बरोबर आसता. अशी प्राकृतिक कविता प्रसाद बरयत वयता तें पळोवन बरें दिसता आनी आमचे फाटीकूय पावलां आसात हाची खोस भोगता.

मुळां हो प्रसादाचो पयलोच काव्यसंग्रह वाचतकूच ह्या नव्या तरणाट्या कवीचेर पातयेवन आतां आमी मुक्त जावं येता अशा भरवंशाची वात पेट्टा. प्रसादाची मुळावी जाणीव आळें धरतली. कारण ताका मुळांचेंच बळगें आसा.

तो रूख
आनी पपसुल्लें तें झाड...
मदीं कितलेंशेंच अंतर...
कोणाकूय खरें दिसत देखून ?
तांची पाळां मुळां
एकामेकांत खुबूच घुस्पल्यांत म्हणून !

प्रसादाचीं मुळां मुळांनी घुस्पतल्यांतूच, तोय बी तितल्याच प्रमाणांत मुळांनी घुस्पला.

तुजे तकलेंत म्हजीं मुळां
म्हजे तकलेंत तुजीं मुळां
तुज्या काळजांत म्हजीं मुळां
म्हज्या काळजांत तुजीं मुळां
तुजीं म्हजीं रूजलीं मुळां
तुज्या पोटांत तुजीं मुळां
तुज्या पोटांत म्हजीं मुळां
आयज अशीं आयलीं किल्लोन
तुजीं म्हजीं नवीं मुळां...

हे घुस्पणेंत कवीक एक खंतूय जाणवता, खंत सर्वसामान्यपणान संवसारांतल्या कांय लोकांनी आपणायल्ली. तुस्त करून घेवपाची संवय सगल्यांकूच बोन्साय करून उडयता. देखून सगली धर्तरी आपली तरी आतां कुंड्यांची संवय करून घेवपाक जाय अशी ही खंत. बंदीस्तपणाक आपणावप, बोन्सायपणाचे कृत्रीम अवस्थेंत वचप... बोन्साय करपी वेगळे आसतात. तांचेप्रमाण चलप... हेंय मुळांक करचें पडटा. मुळांचे हावेस उपाट आसुनूय हें करचें पडटा ही खंत.

कुंडी फोडिल्लीं झाडां
खुबूच वडू जायत गेलीं
त्या झाडांच्या बाडीर हांवेंय
अभिमानान छाती फुलयली...

मनशाचे जिणेंतली ही संमिश्रता, तांतले बरे वायट हें सगलें तो पळयता आनी तें मांडपाचो यत्न करता.

प्रसादाचीं घरां आनी तांतलीं मनशां तुमची मत आकृश्ट करून घेतात.

म्हज्या घरांत
ऐंशीं वर्सांची म्हजी आजी
म्हज्या घरांत
दोन म्हयन्यांची तिची नात
म्हजें घर
ऐंशीं वर्सांचे जाण्टेलें
म्हजें घर
दोन म्हयन्यांचें माणकुलें...

घर मनशाचे जिणेचो एक अविभाज्य घटक. घराक ताणें खूब महत्त्व दिल घरपण, घरंदाज अशीं कितलिंशींच बिरुदां घरान निर्मिल्यांत. तशेंच सातत्य राख हेंच घरपण तिगोवपाची एक मुळावी गजाल. हांगासर जाण्टेली आजी ह्या घरां आसा आनी तिची नातूय आसा. घरपण तिगोवपाचें काम जाण्ट्यांकडल्या भुरग्यांकडेन येता. ''दोन म्हयन्यांचें माणकुलें'' ह्या उतरांनी हीच सातत्याच लक्तुबाय जाणवता. गर्भितार्थ सोदपी आनी तो व्यक्त करपी अशी ही कविता.

घर हो एक समाजीक विचार. पूण केन्ना कवीचें मन चार वण्टींच्य बंदिस्तपणाआड वचपाचें बंड करता. हांगासर ताका लिपून रावल्ल्याचो भास जात आपलें उणाकपण लिपोवपाखातीर बी मनीस घर बांदिना मूं? अशेंय ताका दिसत आनी तो थंय रावताच कित्याक अशें तो बंड करता.

घर आनी घरांतल्या मनशांच्यो तरातरांच्यो अवस्था प्रसादान रेखाटल्यात

पावस, सांज आनी माटोळी अशो आनीक तीन मालिका संग्रहांत आसा पावस आनी सांज या मालिकांत कविता चडशी गितात्म जाल्या. लोकगितांचो बा घेवन आयल्या. मुळां आनी घरां मालिकांतल्या वैचारिकतेक मात्शी कुशीक काडू भावनीक जाल्या.

एके कवितेंत वासरेर दळूंक बसलेले आवयक आपले धुवेची याद येता गांवांतलो पावस सर्वंगी. ताका तासां खूब. तातुंतली ओलसाण फाटली या जागयता, कोणाची हुरहूर जागयता. कोणाच्या दोळ्यांत दुकांचीं कुपां उबी करत आनी केन्नाकेन्ना भर गीम आसतना लेगीत आशाढ झड झडूंक लागता.

लेकीची ही याद
कशी सोंपून सोंपना
आनी

आशाढाची गळटा पांवळी
भर गीम तापतना

असो हो पावस भितरल्यानूच झडपाक लागता. केन्ना तो प्रतिकां निर्माण करता.

तुंब भरिल्ल्या आंगणामदीं
नळ्यावेली पांवळी गळटा
धोलता व्हडें पावळे मदीं
पार पेल्या तडीक लागता
कोण कुंवारी पावस भोगता

प्रसादान पळयल्ल्या काणकोणच्या गच्च पाचव्याचार सैमावयल्यान झडटल्या पावसाच्या भावूक रूपांक अचळय आमचे मुखार हाडून दवरलां.

माटोळेंतली एक कविता हुरहूर - चूरचूर लावन वयता तें पळयात.

चिंचेवयल्या बोटा
धोलनाका आतां
गुरवारीचे दुवाळे
नाका चाळय नाका
आगे म्हजे मातये
जिरय म्हजी लाळ
पोटांत तुज्या पुरतां
नवी एक नाळ
उपाशी पोर देखता
रितें आवय-थान
नंगा भुखा है इन्सान...

प्रसादांत खूब गूण आसात. ह्या गुणांची वाड ताणें सातत्यान करपाक जाय. पुर्वसुरींच्या कवींच्या काव्याचो परिणाम ताचे कवितेंत अवश्य दिसता. तांतल्यान पयस सरपाचें काम जाणगूण सृजनशील कवी करताच करता. ताचे कवितेन फाल्यांचे उल्फर्के जागयल्यात. तो असोच फुडें सरत वचूं ही आस. ताचीं मुळां गगनाक मेळूं, अशी आस्त.

२२.४.१९९५
पाळें - गोंय

रमेश भगवंत वेळुसकार

मुळां धरतना...

आज गोवा कोंकणी अकादेमीचे ‘पयलो चंवर’ येवजणेतल्यान म्हजीं ‘मुळां’ उजवाडाक येतात. ‘तांणी गगनाक मेळचे’ ही भौ. रमेशबाबांच्या हावेसाचीं उतरां तांकां गावल्यांत. म्हाळशीसरांच्या मोठ्या आदाराचेर तीं वाडल्यांत. विल्सनाच्या रंगान तीं रंगल्यांत. श्रीकांत आमोणकारांच्या कौशल्यान नटल्यांत आनी मिलींदान घाल्ल्या उजवाडाचेर पर्जळ्ळ्यांत...

आनी सगल्यांचें मोगाचें रीण सासणाखातीर मोठ्या अभिमानान तकलेर घेवन आळें धरूंक रावल्यांत...

- प्रसाद लोलयेंकार

क्र.	नांव		पान नं.
१.	मुळां	१ ते ३५ कविता	१३
२.	घरां	१ ते ११ कविता	५१
३.	पावस	१ ते ७ कविता	६५
४.	सांज	१ ते ५ कविता	७७
२.	माटोळी	१ ते ५ कविता	८५

मुळं

१.

हांवें हाडलें झाड
रोयलें मातयेंत...

झाडा - मातयेचें जमलेंना
झाडाक मातयेन आपणायलेंना
झाड म्हजें बावत गेलें...

ल्हव ल्हव मूळ धरत गेलें
अचकीत अजाप खंयचें घडलें
कसलें नातें जुळत गेलें...

आतां झाड हुमटितलो म्हळ्यार
तीच माती झाडाक म्हज्या
सोडुंकूच तयार ना...

२.

वाडचें झाड मातयेंत
तशी सहज वाडिल्ली
तिची मूर्त म्हज्या काळजांत...

काळजांत वाडिल्लें हें झाड
एका दिसा मुळांसकट
हुमटून उडयतलों म्हूण पळयलें
पूण एक दोन पाळां मुळां
चुकून तुटून उरलींच...

३.

शेकानशेक वाडिल्लो
तो पिपळाचो रूख...
लोकांनी ताचे भोंवतणी
पेड बांदून काडलें
आनी नमळायेन हात जोडले
लोकांचें हें पिशेपण मानवलेंना
म्हणून घडये,
स्वताक दिल्लें देवपण मानवलेंना
म्हणून घडये,
मुळांनी पेड फोडून उडयलें...

४.

खंय मेळ्ळें काळीज मातयेचें
म्हजें झाड थंय वाडलें.
खंय मेळ्ळें काळीज फातराचें
म्हजें झाड थंय बावलें.

५.

तो रूख
आनी पयसुल्लें तें झाड...
मदीं कितलेंशेंच अंतर...
कोणाकूय खरें दिसत देखून ?
तांचीं पाळां मुळां
एकामेकांत खुबूच घुस्पल्यांत म्हणून !

६.

जिणेंत वावटळ
घरदार, सोयरीं दायरीं
सगलें सोडून वतलों म्हण्टां
तरीय एक एक मूळ इतलें घुस्पलां
कशेंच सुटून सुटना...

केदेय वावटळीक सामकार वचत
झाड उबें कशें रावता?

७.

पिपळार बसून आयतें गिळपी
तरीय नेटान झेत मिरोवपी
हे बेंदलेचीं मुळां पळोवन
शेजरा वाडिल्ली वाल कारांदयाची
मुमुरखीच हांसता
आनी बेंदलेक घरजांवय म्हण्टा.

८.

त्या झाडाच्या मुळांनी
ते मातयेंतलें सगलेंच शोशलें
हें जेन्ना पळयतां
तेन्ना तुजीं पाळांमुळां
अजुनूय काळजांत आसात
हें समजत रावतां

पागरावेल्या फातरफोडयाच्या मुळांनी
पागोर फोडिल्लो पळयतां
आनी भिवन भिवन आंग काडटां.

१.

तो रूख पडल्यार
कितलोसोच तेंप जाला...

त्या रुखामुळांचो फोंडारो तरीय
त्या मुळांच्यो दवरीत यादी
अजुनूय तसोच रावला...

१०.

केंस उळयतना
त्या मुळां-आवयन
त्या मुळांक आतांच सांगलां,
'पावल तुजें घाल सांबाळून
बेठेंच खंयीय घुस्पूंनाका.'

११.

भर गिमांत वता रखरखार
दुधभुकेल्या पाडसावरी
हें मूळ जशें तानेलां
पळोवन ताका अशें आतां
कोणा गायेची भोगत माया
मळब लेगीत पानेला.

१२.

म्हज्या आंगणातलें
झाड पारजताचें
शेकानशेक वाडलें
आंग आंग चंवरलें
भरभरून शिंवरलें
पावलीं फुलां वाडोभर
गंध गेलो गांवभर
म्हज्या वांट्याक तशें
कांय लेगीत आयलेंना...

झाड म्हजें अशें
गांवभरचें जालेलें
म्हाका पळोवचें नासलें
रागाभरयां हुमटिलें
झाडाच्या मुळांनी मात
आंगण म्हजेंच इबाडलें

आजकाल झाड ना
फुलां नात गंध ना
मुळांसकट कांय ना
तरी इबाडलेलें आंगण म्हजें
अजून अशें मेटून मेटना...

१३.

त्या झाडाच्या मुळांनीच
त्या झाडाक शिरंगारलां

झाड अशें शिरंगारलां
आंकरेलां, कोंमरेलां
फुललां, फळ्ळां
भोंवरेलां, पाखरेलां
त्या झाडाचें मूळ मात
आसलें जशें काल
आजूय तशेंच रावलां

त्या झाडाच्या मुळांनीच
त्या झाडाक शिरंगारलां

१४.

तो जोगी
हांगा थंय हेडत रावपी
कोणें बुदवंतान सांगलें ताका
‘आपलीं मुळां घट्ट कर’
तेन्नाच्यान तो जोगी
हांगा थंय हेडत आसा
आपलीं मुळां सोदत आसा.

१५.

त्या झाडाची वाड
सगल्यांचे नदरेंत भरली
कोणाक जरी नाकळ्ळी
त्या मुळांची परवड फळ्ळी...

१६.

हें झाड म्हातारें जालां
अशें पुराय पडूंक तेंकलां
तरीय ताचो पेंच सगलो
नेटान खांदयार पेलत आपल्या
ह्या झाडाचें मूळ हें
झेतान अजुनूय चलत आसा...

१७.

वर्साचीं वर्सां त्रास काडून
त्या झाडाच्या मुळांनीच
त्या झाडाक वाडयिल्लो...

आज झाड हें पडलां
आनी झाडाचीं मुळां सोडून
बाकी सगल्यांक दर आयल्या...

१८.

त्या झाडाच्या मुळांनी
मोग केलो सुर्याचेर
त्या झाडाच्या मुळांनी
जीव व्हगडायलो मोगाचेर

१९.

त्या तेन्ना
विश्व साकारतना
दोन मुळां,
एकामेकांक मेळ्ळीं
वळख खुबूच वाडली
मोग माया दाटली
नवल न्हय, घुस्पलीं!
तेन्नाच्यान फाटल्यान
'घुस्पवप' सोडून गेलीं...

२०.

न्हंयचें मूळ सोदचें न्हय
हेंच आयकत वाडलों
न्हंयचें मूळ वसला खंय
सोदूंक भायर पडलों
तेन्नाच्यान सोदून सोदून
पर्थून नव्यान नव्यान पर्थून
म्हजींच मुळां नवीं नवीं
सोदून काडूंक पावलों.

२१.

काळजांतलीं मुळां अशीं
खुबूच केन्ना तानेतात
विसरून ऋतू तानेर तांच्या
दोळे पावस रकयतात.

२२.

मळबाचेर लावन नदर
हो कोण विचारी
मनशाचीं मुळां सोदता?

बुदवंत मोटो पोसलेलो
सगलें गिन्यान जाणलेलो
ध्येया फाटल्यान लागलेलो
खरसाण सोदूंक पावलेलो

सगलें कळ्ळां तरीय अडलां
बुदवंताचें कितें नडलां?
मळबाचेर लावन नदर
हो कोण विचारी
मनशाचीं मुळां सोदता!

२३.

तुजे तकलेंत म्हजीं मुळां
म्हजे तकलेंत तुजीं मुळां
तुज्या काळजांत म्हजीं मुळां
म्हज्या काळजांत तुजीं मुळां
तुजीं म्हजीं रूजलीं मुळां
तुज्या पोटांत तुजीं मुळां
तुज्या पोटांत म्हजीं मुळां
आज अशीं आयलीं किल्लून
तुजीं म्हजीं नवीं मुळां...
नवीं मुळां तुजीं मुळां
नवीं मुळां म्हजीं मुळां
नवीं मुळां नवींच मुळां...

२४.

ह्या खाजनातलो रेबो असो हो
अजून साळकां फुलयत रावला.
ते गर्भकुडींतलो देव कसो तो
अजून गळ्यांत तीं मिरयत रावला.

२५.

वाघऱ्याच्या मुळांनी
वीख भिनयलां शिरंतरांनी
शिरांक म्हज्या
अनंतामुळांची आस...

अनंताच्या मुळांनी
रक्त शुद्धिलां शिरंतरांनी
शिरांक म्हज्या
वाघऱ्या - मुळां ध्यास...

२६.

म्हज्या मुळांचो उपाट हावेस
तरी बोनसाय करून घेवंक जाय

सगली धर्तरी म्हजी खरी
तरी आतां संवय कुंडेची करूंक जाय.

२७.

प्रदर्शनात लायिल्लीं
बोनसाय केल्लीं झाडां
ते मनीस कौतुकान तोखेतात

त्या झाडांक मुळां नात...
त्या मनशांक मुळां नात...

प्रदर्शनात लायिल्ले
बोनसाय केल्ले मनीस
तीं झाडां कौतुकात तोखेतात

त्या मनशांक मुळां नात...
त्या झाडांक मुळां नात...

२८.

शेकान शेक वाडिल्ल्या
त्या वडाचीं मुळां
वयर सावन
जमनीर देंवल्यांत
आनी हीं कोणा
मनशाचीं पोरां
करून ताचो झुलो
ताचेर झुलत रावल्यांत

२९.

आपल्या मुळांचो तो सोद घेतना
सगली धर्तरी मोट्यान हांसली

आपलीं मुळां ताका मेळटना
दर्या अख्खो रागान गरजलो

ताका मुळांनी न्हयकारतना
मळब मागीर ल्हवूच रडलें...

३०.

त्या किट्ट काळ्या
घट्ट खडपांतूय
त्या मुळांनी
ओलसाण सोदल्या...
त्या किट्ट काळ्या
घट्ट खडपांनीय
त्या मुळांचेर
कोमरी फुलयल्या...

३१.

मिर्गाच्या पावसार पयल्या
ह्या झाडान न्हाण घेत सान
पडट्या पावसांत
वाऱ्या सांगातान
ह्या झाडाचें तांडव हें
ह्या मुळांक सोंसून सोंसना
आनी ह्या झाडाचो यौवनभार
ह्या मुळांक पेलून पेलवना...

३२.

म्हज्या कुंड्यांनी
हांवें थोडीं झाडां रोयलीं
कांय झाडांचीं मुळां
कुंड्यां भितर रावंक शिकलीं
कांय झाडांच्या मुळांनी
बंड करून कुंडी फोडली...
(म्हजीं‍च तेन्ना मुळां हाललीं)

कुंडी फोडिल्लीं झाडां
खुबूच व्हड जायत गेलीं
त्या झाडाच्या वाडीर हांवेंय
अभिमानान छाती फुलयली...

तरीय काळजांत कुसरां उरलीं
त्या झाडाच्या मुळांनी
केन्ना म्हजी कुंडी फोडिल्ली...
(म्हजींय तेन्ना मुळां हालिल्लीं)

३३.

गे पापणी, वाडल्या पोटांत
हीं कसलीं मुळां मिरयता?

मोग म्हजो तुजी वान्सा
मिलन तांचें रुजयता!

कसलीं मुळां रुजयता
गे कसलीं मुळां हुमटायता?

काळखे हे गर्भकुडीत
उजवाड नवो फांकयता!

गे पापणी, वाडल्या पोटांत
हीं कसलीं मुळां मिरयता?

मोग म्हजो तुजी वान्सा
मिलन तांचें रुजयता!

३४.

तें झाड
मूळ धरता
आनी
मूळ धरता...
आनी मूळ धरता
एकदांच... एकदांच... तरी
आंग आंग...
चंवरून येवंक...
एकदांच... एकदांच... आनी
आंग आंग
शिंवरून घेवंक...

३५.

मळबाची धरून आस
त्या झाडान मुळां धरलीं

मनशाची नस्ती आस
त्या झाडाचीं मुळां कापलीं

तेन्नाच्यान तें झाड
व्हड जावचेलो आपलो आंवडो
पर्थून पर्थून गिळत रावला...

घरां

९.

म्हज्या घरांत,
ऐंशीं वर्सांची म्हजी आजी
म्हज्या घरांत,
दोन म्हयन्यांची तिची नात
म्हजें घर,
ऐंशीं वर्सांचे जाण्टेलें
म्हजें घर,
दोन म्हयन्यांचें माणकुलें...

२.

दोगूय आमी
　　शेजरा आसुनूय
तार्चे दुख्ख
　　म्हाका केन्ना कळ्ळेंना
म्हजी खोस
　　ताचे मेरेन पावलीना
एकामेकांक
　　वळखनासतनाच
दोगांचीय
　　जीण सरली
मदीं घराची
　　वणत उरली

३.

ह्या म्हज्या घरांत येतना
येनाकात केन्ना रित्या हातांनी
रित्या काळजांनी...

जें आसा तुमचे लागीं
दिवपासारकें म्हणून तुमचें
सगलें सगलें दिवन चलात
म्हज्या घराक गिरेस्त करात...
जें आसा म्हजे लागीं
व्हरपासारकें म्हणून म्हजें
सगलें सगलें घेवन चलात
म्हज्या घराक गिरेस्त करात...

वचनाकात केन्ना रित्या हातांनी
रित्या काळजांनी
ह्या म्हज्या घरांतल्यान वतना...

४.

केन्नाय येवजितां,
म्हज्या म्हाकाच विचारतां,
हांव घरांत कित्याक रावतां ?...
म्हज्यो सगल्यो गजाली
म्हज्यो सगल्यो मर्यादा
सगलीं उणींदुणीं
चार वण्टींमदींच लिपून उरचीं
म्हणून तर न्हय मूं ?
केन्नाय येवजितां,
आनी म्हज्या म्हाकाच विचारतां,
हांव घरांत कित्याक रावतां ?

५.

त्या घरांत
कितलिशींच काळजां...
काळजांत पर्थून
कितलिशींच घरां...
घरांत पर्थून काळजां...
काळजांत पर्थुनूय घरां...
घरांत काळजां...
काळजांत घरां...
घरांत काळजां...
काळजांत घरां...

६.

मोग नाशिल्लें काळीज नाका
काळीज नाशिल्लो मनीस नाका
मनीस नाशिल्लें घर नाका
घर नाशिल्लो गांव नाका
गांव नाशिल्लो देस नाका
देस नाशिल्लें विश्व नाका

आतां...
विश्व नाशिल्लें घर नाका

७.

म्हज्या घरांत
इल्ल्यो इल्ल्यो कितल्योशोच खोलयो...
ह्या इल्ल्या इल्ल्या खोलयांमदीं
खंयची सोदूं खोलाय हांव?
घुसमटलों...
जायना जावन
मदल्यो वण्टीच उडयल्यो
खोलीच व्हड जाली
धादोसलों... शिकलों...
घराच्यो भायल्यो भितरल्यो
सगल्योच वण्टी उडयल्यो
आतां,
म्हजें घर केदें म्हूण व्हड जालां...
नदरेंतूच धरना!
लोक मात अजुनूय पिशे
म्हण्टात,
'तुका घरच ना'
तांचीय चूक ना
जांचे नदरेंत
मदीं घराच्यो वण्टी येतात
तांकां वण्टी नाशिल्ली
म्हजी नदर कळचीच ना.

८.

ते खोपीक अन्न ना
ते खोपीक त्या बंगल्याची नसाय ...

त्या बंगल्याक शांती ना
त्या बंगल्याक ते खोपीची नसाय ...

ते खोपीक त्या बंगल्याची नसाय ...
त्या बंगल्याक ते खोपीची नसाय ...

९.

हांव मडगांव रावतां
भाव काणकोण रावता
काका मुंबय रावता
आत्या दुबय रावता
सगल्यांचें एक घर आसा
एक वणत मडगांव आसा
एक वणत काणकोण आसा
एक वणत मुंबय आसा
एक वणत दुबय आसा
आनी सांजवेळचो लामणदिवो
अखंड मदीं पेटत आसा.

१०.

ह्या बापायचे सगले पूत
वेगळ्या घरांत वेगळे रावतात
तरीय बापूय झेतान सांगता,
'आमची सगली जॉयंट फॅमिली'.

त्या बापायचे सगले पूत
एका घरांत एकठांय रावतात
तरीय बापूय म्हणूंक भियेता,
'आमची सगली जॉयंट फॅमिली'.

११.

त्या घोंटेराच्या सुकण्यांनी
सोडून घोंटेर दिगंत हुपला...
त्या सुकण्यांचो घोंटेर आज
मळबायेदो जाला ...
त्या सुकण्यांचो घोंटेर आज
दिगंत भोगूंक पावला...
त्या घोंटेराच्या सुकण्यांनी
सोडून घोंटेर दिगंत हुपला...

पावस



१.

वासरेवेलें दळण
माय दळटां दळटना ।
भरून येती दोळे
गे कळटा नकळटां ।।
लेकीची ही याद
कशी सोंपून सोंपना ।
गिमाचो हो भार
पावसा सुलूस लागना ।।
अचकीत वाजती नळ
तरी, काळवेळ नासतना ।
आशाढाची गळटा पांवळी
भर गीम तापतना ।।

२.

भरल्या कुपांनी मळब दाट्टा
खंयच्या वनां मोर नाचता
        कोण कुंवारी पावस भोगता
वेल्या वेल्या दोंगरासून
घसघशांचो घोघो रकता
ना आयकता कोणाकूच
व्हांवतो व्हाळ भरून व्हांवता
        कोण कुंवारी पावस भोगता
तुंब भरल्या आंगणामदीं
नळ्यावेली पांवळी गळटा
धोलता व्हडें पांवळेमदीं
पार पेले तडीक लागता
        कोण कुंवारी पावस भोगता
सैरभैर जालो वारो
सर्रऽऽ कशी वावझड हाडटा
घागरो पोलको चिंब ओलो
दोळ्यांतुलें सपन भिजता
        कोण कुंवारी पावस भोगता
भरल्या कुपांनी काळीज दाट्टा
खंयच्या मना मोर नाचता
        कोण कुंवारी पावस भोगता

३.

पिळून काडचीं कुपां
तसो पावस रकला ।
देखून रकत्या पावसा
अशें काळीज फाटलां ।।धृ।।

येयी उटंगाराची याद
खीण खीण रडलां ।
म्हजी मळबांतली साद
पुरी ताळ्यांत विरल्या ।।१।।

एकटी एकटी जीण
पावस म्हजो वांटला ।
पावसान हाडलें दुख्ख
कितलें खरें भासलां ।।२।।

४.

तुजी भिजून नाचची आस...
गे भोवाळे,
तुजे मिर्ग-पिशे दुवाळे ।
म्हाका पावसाचे भास...
गे भोवाळे,
म्हजे मिर्ग-ओले सुवाळे ।।

५.

पावसाची धार लागल्या...
पावसाचेर भार आयला...

पळोवन हो पडटो पावस
कितें तिच्या आंगांत भरलां
पडट्या पावसा वचत सामकार
थैयथैयथैय तांडव खेळ्ळां

जोगूल तिच्या खेळटा आंगांत
गडगड मारता कानसुलांत
पावसाधार घेत माथ्यार
न्हाण न्हाता नाचत मळार

पडट्या पावसांत उकत्या रानांत
सोडून वस्त्रां सगलीं बेगडी
जावन धुंद पावसा वांगडा
ती घालता नागडी फुगडी

फू... फू.... फुगडी.... फू...
फू... फू.... फुगडी.... फू...

६.

आळवाच्या पानावेलो
थेंब पावसाचो...
हांवें पळयला...
हांवें भोगला...
हांव जगलां...

आतां कोणूय येयात
म्हजे भितर,
विश्व पळयात...
हांव जालां,
आळवाच्या पानावेलो
थेंब पावसाचो...

७.

पावसा, तूं योच यो
असो घोग्यांनी यो...
म्हाका भिजय, म्हाका न्हाणय
जंजळावन काड कूड म्हजी
आनी म्हाका शिकय
शांत विचारी पुरसावरी
शेनत रावंक...
सर्वांग जुवानी न्हाल्या
मस्त मदांत तरण्यावरी
वावटळ जावन येवंक शिकय
भाटांवेसां गुडी देवळां
सांवार घेतिल्लो हुंवार जावन
भुंयभरवण करूंक शिकय...
शिकय म्हाका
श्रावण जावन आपालिपा खेळूंक
सानसानुल्या माणकुल्यावरी
वाऱ्या संगतीन धोलूंक
पानापानार नळ्या नळ्यार

भुरगो जावन नाचूंक...
धुंद कुंद कुंवरावरी
येवन अचकीत वावझड कशी
सर्वांगाचेर हाडून शिरशिरी
शिकय म्हाका मना भुलोवंक...
घट्ट काळ्या खडपांतूय
पाझर फोडूंक शिकय म्हाका
शिकय म्हाका जावन झरो
तानेल्ल्यांची तान भागोवंक
चिखलान भरिल्ल्या सगल्यांक
न्हाण घालूंक शिकय म्हाका
शिकय म्हाका
आंगणातली चौकांतली
सगली घाण व्हांवन उडोवंक...
हाचीं सपनां ताचीं सपनां
सगलीं सपनां विंगड विंगड
फाटीर घेवन येवंक शिकय
शिकय म्हाका सपनां फुलोवंक...

शिकय म्हाका जिवीत हाडूंक
जिवीत दिवंक शिकय
शिकय म्हाका जिवीत फुलोवंक
आनी शिकय
सगल्यांकूच एकाच मापान तोलूंक...
कसोय येवं केन्नाय येवं
नाचत येवं धांवत येवं
मस्ती करूं खेळ करूं
सगल्यांकूच बेजार करूं
तरीलेगीत सगल्यांकूच
जायजायसो जावंक शिकय...
मागीर पावसा,
हांव मोठ्या समादानान म्हणन
'हांवें चार पावसाळे पळयल्यात'

सांज

१.

सांज म्हाका कळत सावन
सांज वेगळी उरली ना
ती जाल्या म्हजेच भितरली
झिळमिळटी भावना...

२.

मोगी मेळूंक येतलो म्हणून
रंगल्या, शिरंगारल्या
लजेन आजूय तामशी जाल्या
ही आंकवार तिळसान
जरी पिशेक आसा खबर
जीण तिची वतली भरून
त्याच कालच्या काळखान

३.

संथ चालीन सरचें भितर
सदचेवरी गोरूं गोठ्यां
तशी येता सांज शेतां...

पिकेवेलें शेत सर्दाचें
आंग आंग हळद न्हाता
सांगूंक ताचें गुपीत दिकांक
सुकण्यांभिरें मळब हुपता...

शेतापेल्या गजनी बांदार
कोण रेंदेर माडार चडटा
रेंदराचें आयकूंक कांतार
सदचें बळार उडत येता...

दमून भागून कुळवाडी
घरा यादीन वाटेक लागता
दिसभराचो ताप कामाचो
ताचे कुडीवेल्यान देंवता...

संथ चालीन सरचें भितर
सदचेवरी गोरूं गोठ्यां
तशी येता सांज शेतां...

४.

दोळ्यांपेल्यान वतना
भिजून वता सांज
सांज शेंदूर न्हातना
कुकूम मागता भांग ।
बुडत काळखांत वतना
लागून लागना थांग
कित्याक म्हजे रंग व्हेले
सांग सांजे सांग ।।

५.

थर थर थर थर थरथरता
एक सांज सांजेता...
कोणा यादीन आनी कोण हुंडकेता
एक दूक थिरावता...
        एक मोग सोंपतना
        एक माया सोंपतना
        एक नातें सोंपतना
कोण फकीर पिसो हो
सोंपले खीण मागता...
        एक मोग भिजतना
        एक माया भिजतना
        एक नातें भिजतना
कोण फकीर पिसो हो
भितरल्यान तानेता...
        एक मोग उरतना
        एक माया उरतना
        एक नातें उरतना
कोण फकीर पिसो हो
रिती जीण भोगता
        थर थर थर थर थरथरता
        एक सांज सांजेता
        कोणा यादीन आनी कोण हुंडकेता
        एक दूक थिरावता...

माटोळी

१.

छुकू छुकू छुकू छुकू...
छुकू छुकू छुकू छुकू...

चिचेवयल्या बोटा
धोलनाका आतां
गुरवारीचे दुवाळे
नाका चाळय नाका
आगे म्हजे मातये
जिरय म्हजी लाळ
पोटांत तुज्या पुरतां
नवी एक नाळ
उपाशी पोर देखता
रितें आवय-थान
नंगा भुखा है इन्सान...

छुकू छुकू छुकू छुकू...
छुकू छुकू छुकू छुकू...

काडल्यो काडावडी
गळयलो घाम
शेतामदीं म्हज्या
पिकयलें सपन
पिकेवयलें शेवण्यां भिरें
आयलें खंयच्यान
गोटे खावन गेलें भिरें
दवरून पोकें धान
उपाशीं पोर देखता
रितें आवय - थान
नंगा भुखा है इन्सान...

छुकू छुकू छुकू छुकू...
छुकू छुकू छुकू छुकू...
कू...ऽऽ...ऽऽ...

२.

सुर्या जावन
पेटून उठून
दिसभर भगभगून
जैतां जोडून, रणां जिखून
तिळसनां जाळ घेवन
खर्शेवन खर्शेवन
तुजेसरीं येन हांव...
तूं तेन्ना,
दर्या जा...

३.

म्हज्या शेतांतल्या तळ्यांमदीं
एक बळार उबें रावलां
एका पायार रावन उबें
केदोळसान चितूंक पडलां
‘ह्या येद्याशा तळ्यांमदीं
अशें मळब कशें पावलां ?’

४.

दर्यांत जें कितें पडलें
दर्यांन तें वेळेर हाडून उडयलें
कोणेंतरी सांगलें,
'दर्या आपल्याकडेन कांयच दवरिना'
हांवें दर्याक विचारलें,
'दर्या रे...,
तूं तुजेकडेन कांयच दवरिना?'
दर्यान सांगलें,
'कितल्याशाच जाणांचीं दुकां
थोडीं खोशयेचीं, थोडीं दुख्खाचीं
हांवें म्हजेचकडेन दवरल्यांत
कोणाक अजून खबर ना'.

५.

फोडून सगल्यांक काडी
हातांत घेवन बेतकाडी
दसऱ्याच्या दिसा
देव जाता घाडी

दसऱ्याच्या दुसऱ्या दिसा
घाडी सादो वावराडी
दसऱ्याची पळयत वाट
काडी वर्सभर काडावडी

दसऱ्याच्या दिसा
देव जाता घाडी
आनी वर्सभर आपली
घाडी लिपयता बेतकाडी

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,
श्रीस्थळ - काणकोण, गोंय - ४०३७०२